19.03.2026 सकाळी 7.25 वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र - प्रादेशिक खबरा विभाग, प्रादेशिक खबरो

आयज संवसार पाडवो. हिंदू पंचांगाप्रमाण आयज नवें वर्स सुरु जाता. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा म्हळ्यार नव्या वर्साचो पयलो दिस. साडेतीन म्हुर्तातलो हो 'एक' शुभ म्हूर्त अशें मानतात. आयज सावन शालीवाहन शक १९४८ 'पराभव' संवत्सर सुरू जाता. आयज सकाळी गुढी पूजन करून ह्या दिसाच्यो कार्यावळी सुरु जातात. साडेतीन म्हूर्तातलो पाडवो एक शुभ म्हूर्त आशिल्या कारणान घरप्रवेश, नवी आस्थापनां सुरु करप , नव्या प्रकल्पांची पायांभरणी करप, नवो धंदो वेवसाय सुरु करप अशी कितलींशींच कामां आयचो दिस बरो मानून सुरु जातात. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा ते चैत्र शुद्ध नम अशें णव दिस रामनवरात्र मनयतात. वर्षभरात हिंदू पंचागां प्रमाण साडेतीन म्हूर्त शुभ मानतात. तातूंत हो संवसार पाडवो-एक , दसरो - एक, अक्षय्य तृतिया-एक आनी गोरवांचो पाडवो म्हळ्यार कार्तिक शुद्ध प्रतिपदा-अर्धो अशें मेळून हे साडेतीन म्हूर्त जातात.

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गुडी पाडव्याच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. "गुडी पडव्यान पारंपारीक नव्या वर्साची सुरवात करता. हो उत्सव नव्या सुरवातीचें, आशेचें आनी समृध्दीचें प्रतीक आसा. आमच्या देशांत हो उत्सव वेगवेगळ्या नांवान मनयतात. आंध्र प्रदेश आनी तेलंगणा हांगा हो उत्सव ' उगादी' म्हण मनयतात, जाल्यार सिंधी समाज हो उत्सव चेटी चांद' म्हणून मनयतात. राज्या प्रमाण ह्या उत्सवाचीं नांवां आनी चालीरिती वेगवेगळ्यो आसल्यो तरी ताचो मुळावो सार एकूच उरता, जो नवनिर्माण, आशा, समृध्दी आनी भारताचो जीवित सांस्कृतीक एकचराचो उत्सव मनयता अशें राज्यपालानी आपल्या संदेशांत सांगलां.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गुढी पाडव्याच्या फाटभूयेर परबीं दिलयात. पारंपरीक नव्या वर्साची सुरवात आशिल्लो हो सण सगळ्यांच्या जीणेत खुशालकाय, समृध्दी आनी बरी भलायकी घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री सावंत हाणी मागला. मुख्यमंत्र्यानी आपल्या संदेशांत आमची सांस्कृतीक परंपरा तिगोवन दवरपाचेर भर दिला.

फोंडे मतदारसंघात जावपा आशिल्ल्या पोट वेंचणुकेच्या फाटभुंयेचेर काल दक्षिण गोंयच्यो जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी नियाळ बसका घेतली. मडगावच्या माथानी साल्ढाना प्रशासकीय संकुलात तांणी वेंचणूक खर्च देखरेख पंगडाचे अधिकारी आनी हेर खात्याच्या प्रतिनिधींबरोबर उलोवणी केली.
वेंचणूकेच्या मजगती कसलेच बेकायदेशीर पयशांचे वेव्हार जावंचे न्हय आनी कोणाकूय लाच दिवची न्हय ह्याखातीर ह्या पंगडान फावो ते जतनायेचे उपाय घेवचे आनी अशी घडणूक दिसून आयल्यार ताची कागाळ नोंदोवची अश्यो सुचोवण्यो जिल्होधिकाऱ्यांन ह्या पंगडाक केल्या. फांडेची वेंचणूक ९ एप्रिल दिसा जावपाची आसा.

काल विरोधी आमदारां सयत  विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजु हांची लोकभवनाचेर भेट घेतली.आचारसंहितेचो विधीमंडळाचेर कायदेशीर अधिकार ना आनी सभाघर सर्वोच्च आसता.  महाराशट्र, गुजरात, नागालॅण्ड, त्रिपुरा,कर्नाटक, हांगा लेगीत  पोट वेंचणुक जाता, मात थंय विधानसभा सुरु आसा,आनी गोंयात मात विधानसभा स्थगित  केला असो आरोप  युरी आलेमाव हांणी केला.  राज्यपालानी परतून खासा अधिवेशन आपोवचे अशी मागणी विरोधकांनी निवेदनावर्वी  राज्यपालाकडे केल्या.
मजगती फोंडेचे पोटवेंचणुके खातीर आदर्श आचारसंहिते प्रमाण गोंय विधानसभेच्या कार्यवाहीचेर मर्यादा घालता काय ना हाचेर स्पशटीकरण मागपा खातीर आरजीपी आमदार विरेश बोरकार हांणी मुखेल वेंचणूक आयुक्ताक पत्र बरयलां.

प्रधानमंत्री मत्स्य संपादन येवजणे' खाला गोंयांत तीन 'नुस्तेमारी शेतकार उत्पादक संघटना'स्थापन केल्यात. नुस्तेकार आनी नुस्तेकारांची अर्थीक क्षमता घटमूट करप हो हे येवजणेचो मुखेल हेत आसा.कैंद्रीय नुस्तेमारी मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण फाटल्या पांच वर्सांत देशभरांत वट्ट 1 हजार 990 एफएफपीओ स्थापन जाल्यात, तातूंतले तीन गोंयांत आसात. नुस्तेमारी मळार सामुहीक वाटाघाटी घटमूट करपाक, विपणन प्रक्रिया सोपी करपाक आनी उत्पन्नाची संद वाडोवपाक हो उपक्रम तयार केला.'नॅशनल फिशरीज डेव्हलपमेंट बोर्ड' (एनएफडीबी), एसएफएसी, नाफेड आनी एनसीडीसी ह्या कैंद्रीय सौंस्था वरवीं ही येवजण चालीक लायतात.

सांगे नगरपालिकेचे नवे उपनगराध्यक्ष वेंचून काडपाखातीर काल जाल्ले बसकेत इक्बाल सय्यद हे वेंचून आयले. आदले उपनगराध्यक्ष संगमेश्वर नाईक हांणी आपल्या पदाचो राजीनामो दिल्ल्यान रिते जाल्ले हे पद भरुन काडपाखातीर ही बसका आपयिल्ली.
हे वेंचणुकेखातीर इक्बाल सय्यद हांचेसयत मेसियस डिकॉस्ता ह्या दाेन वांगड्यांनी उमेदवारी अर्ज भरिल्ले. \

कर्नाटक आनी तामिळनाडू मजगतीं तयार जाल्लें टर्फ तशेंच हेर वातावरणीय बदलाक लागून राज्यांत आयज पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. जोगलां आनी गडगडा सयत पावस पडपाची शक्यताय आसा. खात्यान पावसाखातीरचो येलो अलर्ट जारी केला. मजगती  पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काल पणजेत चडात चड तापमान३३.५ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २३.४औंश  सेल्सिअस नोंद जाला.